# <u>मडगांवा प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात उपमुख्यमंत्र्या हस्तुकीं तिरंगो बावटो हुबयलो</u>

ता. 26 जानेवारी 2021

गोंय देशातले शेतीप्रदान राज्य करून अर्थवेवस्थेत वाड करपाच्या दिकेन सरकार नेटान पावलां मारता, अशें आयज उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर हांणी मडगावां दक्षीण गोंय जिल्होधिकारी कार्यालय प्रकल्पात आयोजीत प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयले उपरांत उलयताना सांगले.

श्री. कवळेकर हांणी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखालच्या सरकारान केल्ल्या विकासाची तशेंच राज्यांत कोवीड म्हामारीचेर नियंत्रण दवरपा खातीर केल्ल्या प्रयत्नांचीय तोखणाय केली.

श्री. कवळेकर हांणी देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर योगदान दिल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांक आर्गां ओपली तशेंच स्वतंत्र देशातल्या नागरिकांक आदर्श संविधान दिल्ल्या फुडाऱ्यांक आनी जाणकारांकय अभिवादन केले.

सुरवातीक उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दिली आनी संचलनाची पळोवणी केली.

सुवाळ्याक राज्यसभा खासदार श्री. विनय तेंडुळकर, आमदार श्री. चर्चिल आलेमांव, आलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स, क्लाफासियो डायस, दक्षीण गोंय जिल्हा पंचायत उपाध्यक्ष श्री. खुशाली वेळीप, जिल्हा पंचायत वांगडी श्री. उल्हास तुयेंकर, दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी श्री. अजीत रॉय, पुलीस अधिक्षक पंकज कुमार सिंग आनी हेर सरकारी अधिकारी हाजिर आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/117

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji